**पर्यटन मंत्र्यानी वांटली लाडली लक्ष्मी येवजणेचीं मंजुरी पत्रां**

पणजी, २० सप्टेंबर, २०१८

भाद्रपद २९, १९४०

पर्यटन मंत्री श्री. मनोहर उर्फ बाबू आजगांवकार हांणी पेडणे तालुक्यांतल्या 30 लावार्थ्यांक लाडली लक्ष्मी येवजणेचीं मंजुरी पत्रां आयज पेडणे हांगा जाल्ल्या सुवाळ्यांत वांटली.

येणावळ मतींत घेनासतना चालीक लायिल्ल्या लाडली लक्ष्मी सारकिल्या येवजण्यांनी अर्थीक ताण उणो करूंक मजत केल्या अशें श्री. आजगांवकार हांणी ह्यावेळार उलयताना सांगलें. ही अर्थीक मजत चलयेचें लग्न पालकांचेर एक वजें जावचे ना हाची खात्री करता अशें तांणी मुखार म्हणलें.

गृह आधार, दयानंद सामाजीक सुरक्षा सारकिल्यो वेगवेगळयो येवजण्यो चालीक लायिल्ले खातीर श्री. आजगांवकार हांणी मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार हांची तोखणाय केली तशेंच मुख्यमंत्र्यांची भलायकी बेगीन सुदारची अशें मागपाचें आवाहन केलें. आयुश हॉस्पिटल, आंतरराष्ट्रीय स्टेडियम, मोपा विमानतळ, रवींद्र भवन सारकिले प्रकल्प पेडणेच्या थळाव्यां खातीर रोजगार संद निर्माण करतले अशें तांणी सांगलें.

ह्या सुवाळ्या वेळार पेडणे नगरपालिकेच्यो नगराध्यक्षा कुमारी श्रद्धा माशेलकर, वझरी ग्रामपंचायतीच्यो सरपंच श्रीमती संगिता गांवकर हांचे उलोवप जाले.

वारखंड-नागझरचे सरपंच श्री. प्रदीप कांबळी, चांदेल-हसापूरचे सरपंच श्री. संतोष मळीक, विर्नोडाचे सरपंच श्री. भारत गावडे, खाजने-पोरसकडेचे सरपंच श्री. रॉश फेर्नांडीस, तोर्शेचे सरपंच श्री. बबन डिसोझा, कोरगांवचे उप-सरपंच श्री. रंगनाथ कलशावकर, आनी पेडणे नगरपालिकेचे नगरसेवक श्री. दीपक मांद्रेकर हे मानेस्त ह्या सुवाळ्याक हजर आशिल्ले.

मा/वाप/टीएसएस/जॉआ/स्नेस/फ्रारि/२०१८/१५५९